# म्हायती सचीव सरप्रीत सिंग गिल हांची गोवा पॅव्हेलियनाक भेट

ता. 19 नोव्हेंबर 2025

आयुक्त आनी म्हायती आनी प्रसिध्दी सचीव सरप्रीत सिंग गिल हांणी आयज नवी दिल्लीत भारत आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यातल्या गोवा पॅव्हेलियनला भेट दिली. श्री सरप्रीत सिंग गिल हांणी गोंय राज्याच्या प्रदर्शनांची पळोवणी केली आनी कार्यक्रमात सहभागी जाल्ले अधिकारी, कारागीर, कलाकांर आनी वेवसायिकांकडेन संवाद साधलो.

श्री गिल हांका मंडपात माहिती अधिकारी श्री ऑलविन झेवियर परेरा आनी सहाय्यक माहिती अधिकारी श्री गोविंद गावकर हांणी येवकार दिलो. तशेंच कलाकारांनी ढोल आनी ताशांच्या गजरात पारंपारिक पद्धतीन तांका येवकार दिलो.

श्री. गिल हांणी गोंय पॅव्हेलियनातले सर्जनशील सादरीकरण, डिझाइन आनी हेर कलात्मक प्रदर्शनाची तोखणाय केली. पर्यटन, उद्देग, ग्रामीण विकास, हस्तकला आनी हेर विभागांनी आपल्या प्रदर्शनातल्यान गोंयची समृद्ध संस्कृती आनी राज्याच्या उदरगतीचेर उजवाड घातला.

गोंय पॅव्हेलियनातल्या प्रदर्शनाची तोखणाय करतना श्री. गिल हांणी आयआयटीएफ सारख्या प्रदर्शनातल्यान राज्यांची संस्कृती, प्रगती, गुंतवणूक क्षमता, दर्जेदार उत्पादनां राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय प्रेक्षकां मेरेन पावपाक मजत जाता, अशें सांगलें.

अंदमान आनी निकोबारच्यो सचीव (पर्यटन) ज्योती कुमारी हांणीय गोंय पॅव्हेलियनाक भेट दिली. "गोवा पॅव्हेलियनाक भेट दिवन आपल्याक समाधान जाल्ल्याचे म्हणलें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/891

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.